## भलायकी मंत्र्याहस्तूकीं बायलांखातीरच्या युनिव्हर्सल हेल्पलायन सेवेचे उक्तावण

ता. 10 सप्टेंबर 2018
19 भाद्रपद 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी आयज 108 एम्बुलन्स सेवेक 10 वर्सां पूर्ण जाल्ले निमतान कला अकादमीत आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात बायलांखातीरच्या 181 हया युनिव्हर्सल हेल्पलायन सेवेचे उक्तावण केले.

हया वेळार उलयतना श्री. राणे हांणी सांगले, मनशाची जीण वाचोवपाचो एक म्हत्वाचो उपक्रम म्हुण 2008 वर्सा सरकारान राज्यात 108 एम्बुलन्स सेवा सुरू केली. हया सेवेवरवीं हजारांनी लोकांचे जीव वाचोवपाक मदत जाल्या आनी ही सेवा अशीच चालू उरतली. भलायकीच्या मळावयल्या साधनसुविधांनी सुदारणा आनी वाड करपाखातीर मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचेकडल्यानक जाय तशें सहकार्य मेळिल्लेखातीर भलायकी मंत्र्यान मुख्यमंत्र्याचे आभार मानले. आयज 108 एम्बुलन्स सेवेचे आधुनिकरण जाल्ले आसून जीव वाचोवपाक लागपी गरजेच्यो सुविधा एम्बुलन्सीनी आसा. हालीच मोटारसायकल एम्बुलन्स सेवा सुरू केल्ली आसा, अशेंय भलायकी मंत्र्यान सांगले.

श्री. राणे हांणी दुर्येतीक उपचाराखातीर बेगोबेग हॉस्पिटलांनी पावोवपाक जीव्हीके-इएमआरआय च्या कर्मचा-यांकडल्यान जावपी सेवेचीय तोखणाय केली.

भलायकी सचिव श्री. अशोक कुमार हांणी जीव्हीकेच्या एम्बुलन्स सेवेची तोखणाय करून ही सेवा शारी तशेंच ग्रामीण वाठारांनी उपलब्ध आशिल्ल्याचे म्हणले.

हया वेळार 108 जीव्हीके ईएमआरआय सेवेच्या कंत्राटाचे फुडल्या 10 वर्साखातीर नुतनीकरण जाले.

जीव्हीके ईएमआरआय चे संचालक श्री.के.कृष्णन राजू हांचेय हया वेळार उलवप जाले. हेल्पलायनीचो 181 हो नंबर टोलफ्री आसा आनी बायलांनी गरजेच्या प्रसंगार हया नंबराचेर डायल करून मदतीची मागणी करची.

हया वेळार भलायकी मंत्र्याहस्तूकी दोन 181 एम्बुलन्सी तशेंच गोवा शिपयार्डान देणगी दिल्ल्या 108 एम्बुलन्सीक बावटो दाखोवन सेवेची सुरूवात केली.

हया वेळार भलायकी मंत्र्याच्यो ओएसडी डॉ. राजनंदा देसाई, भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, गोमॅकोचे डीन डॉ. प्रदीप नाईक, बायला आनी भुरगी उदरगत संचालनालयाचे संचालक श्री. दिपक देसाय, गोंय विद्यापिठाच्या बायला शिक्षण विभागाच्यो मुखेली प्रा.शैला डिसौझा आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

कु.नम्रता वायंगणकर हाणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

कु. पूर्ती पाटकर हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1526